# 9 वाद्यां

## कृती 1 आमची वाद्यां जाणून घेवया

भारतीय शास्त्रीय आनी लोकसंगीतांत वापरिल्लीं हीं कांय वाद्यां. क्यू. आर. कोड स्कॅन करून तुमी तांचे आवाज आयकूंक शकतात (ह्या पानाच्या वयल्या उजव्या कोनशाक आसा).


0337CH09


हार्मोनियम


बांसुरी


मृदंगम


संतूर


सितार


सरोद


सारंगी


तबला


शहनाई


मंजीरा


पखवाज

**तुमी खंयचीं वाद्यां पयलीं आयकल्यांत?**

**तुमी शिकिल्ल्या काश्मिरी गीतांत, बुंमबरो गाण्यांत वाद्यां मेळटलीं?**

**शिक्षकाक टिपणी**

वर्गा खातीर येवन वेगवेगळीं वाद्यां वाजोवपाक शिकोवपी थळाव्या संगीतकारांक आमंत्रण दिवचें.

© NCERT not to be republished

## कृती 2 किचन ऑर्केस्ट्रा करप



जेन्ना संगीतकारांचो पंगड वेगवेगळीं वाद्यां एकठांय वाजयता आनी एकठांय संगीत तयार करता ताका ऑर्केस्ट्रा अशें म्हण्टात.

**तुमी तुमच्या घरांत किचन ऑर्केस्ट्रा तयार करूं शकता?**

**रांदचेकुडीच्या वाद्यवृंदांत रांदचेकुडीच्यो खंयच्यो वस्तू वापरूं येता?**

**तुमी तुमचो किचन ऑर्केस्ट्रा उंड्रा म्हजा मामा हें गीता वाजोवंक शकता, पयलीं शिकिल्लें कोंकणी गीत वा तुमकां खबर आशिल्लें हेर खंयचेंय गीत?**

© NCERT not to be republished

## कृती 3 शेकर तयार करात!

**तुका खबर आसा?**

तुमी किते फिलींग करता आनी बाटलेंत कितलें भरपाचें प्रमाण घालतात ताचेर आदारून शेकर वेगवेगळे आवाज काडटलो. तुमी वेगवेगळें तरांचें अन्नधान्य, कंकड, गड्डे वा बियो घेवंक मेळटात. स्वता करून पळयात.



खंयचे दाणे सगळ्यांत व्हडलो आवाज करतात? चड दाणे घालतना शेकर चड आवाज करतात?

शेकर हो ताल तयार करपाखातीर वापरांत येवपी पर्क्युसिव वाद्यां. वाद्याक हालोवन आवाज तयार जाता म्हूण तांकां शेकर अशें म्हण्टात.

स्वताचो शेकर करपाक तुमकां गरज पडटली-

- एक ल्हान, रिसायकल केल्ली बाटली.
- मूठभर सुकी दाळ वा धान्यां, मणी, कंकड.
- रंग.

तुमचो शेकर एकठांय करप-

- एक बाटली भितर आनी भायर पुरायपणान सुकून दवरात.
- बाटलींत सुकी दाळ, शिजय नाशिल्लें तांदूळ वा तुमकां आवडटा तें कितेंय घालचे. याद दवरात, वेगवेगळ्यो वस्तू वेगवेगळे आवाज काडटले.
- बाटली घट्ट बंद करात.
- बाटलीचो भायलो भाग सजयात. तुमच्या आवडीच्या रंगांनी रंगयात, आनी ताचेर चकचकीत आनी स्टिकर लायात.
- बाटली सुकोवपाक दवरात.
- तुमचो शेकर वापरपाक तयार आसा.



© NCERT not to be republished

## कृती 4 वाद्यांचो आवाज

तुमी उपरांत वाद्यां वाजोवपाक शिकतले पूण पयलीं आनीक कांय वाद्यांचो आवाज आयकूंयात.

***दाफली, डमरू, धोल, ढोलक, तबला, एदैक्का, चेंडे*** – हीं वाद्यां जांचीं आगां लांकडाचीं वा तांब्याचीं आसतात पूण जांचीं मुखामळां केन्ना माथ्यार तर केन्ना उजवे आनी दावे वटेन आसतात. तांकां हातान वा बडी घेवन वाजोवपाक येता.



*ताविल*



*घुमट*

NCERT not to be republished

**कृती 5** तुमच्या भोंवतणच्या उत्सवांनी कितलेशेच तरेचे धोल वाजोवपाचे प्रकार तुमी पळयल्यात आसतलेच. तांचो आवाज आमी आयकूंक जाय आनी तांची चित्रांय पळोवपाक जाय.



न्खुआंघ ड्रम



डफली




नागाडा



ढोलू

© NCERT not to be republished

कांय वाद्यांचीं चित्रां एकठांय करून हांगा चिकटयात-



बांसुरी



नागस्वरम



शहनाई



रणसिंगा

© NCERT not to be republished

## कृती 6 आयकयात आनी संगीतांतले नमुने शिकात

रागाची वा तालाची पुनरावृत्ती जाता थंय संगीतांतले नमुने सोदून काडात. हाचो सराव करात आनी सकयल दिल्ल्या नमुन्यांक पाळो दिवचो.

**शिक्षकाक टिपणी**
भुरग्यांक ह्यो नोट्स भितल्या शैलींत, आकार आनी अलंकार वा सरगम शैलींत गावपाक दिवयात. तांकां सदांच टाळयो वा खंयच्याय वाद्यां वांगडा ताल दवरपाक लायात.
गायन करतना स्वासाचेर नियंत्रण दवरचें पडटा, अशेंय आमी विद्यार्थ्यांक समजावन सांगपाक शकतात.

ह्या व्यायामाचो सराव करात आनी सकयल दिल्ल्या नमुन्यांक पाळो दिवचो –

सा रे ग म प ध नी सां
Sसा नी ध प म ग रे सा

सारे रेग गम मप पध धनी नीसा S
सानी धप पध पम मग गरे रेसा

सारेग रेगम गमप मपध पधनी धनीसा
पध पधनी धपम पमग मगरे गरेसा

सारेगम रेगमप गमपध मपधनी पधनीसा
नीधप नीधपम धपमग पमगरे मगरेसा

© NCERT not to be republished